Panaji Regional 6th March 2026 7.25am

Budget

गोय विधानसभेचें अर्थसंकल्पी अधिवेशन आयज सावन सुरू जाता. 27 मार्च मेरेन चलपी ह्या अधिवेशनां आज पयल्याच दिसा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 2026 - 27 अर्थीक वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले.

Sardesai –

अर्थसंक्लपिय अधिवेशनाच्या फांटभुयेंर आपणे गोंयकारकडल्यान सुचोवण्यो मागयल्लयो. आपल्याक दोन हजार एकशे tryannv सुचोवण्यो आयल्यात अशी म्हायती गोवा फोवरर्ड पक्षाचे मुखेली आनी फार्तोडेचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी दिली. लोकांचे हे पश्न आपुण मांडटलो अशें तांणी सांगले.

Borkar –

Goa खाजन संरक्षण आणि पुनर/संचयन विधेयक सादर केला ते सरकारान चालीक लावपाची मागणी सरकाराकडे करतले अशी म्हायती रेव्हुलेशनरी गोवन्स पक्षाचे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी दिल्या.

Rashmi/राजेश

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल शिरगांवा लईराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुयेंर प्रत्यक्ष भेट दिवन खबरदारीचे उपाय, तशेचं हेर तयारी विंशी नियाळ घेतलो. अंदु 21 एप्रिलाक लईराई देवीची जात्रा जातली. पोरु जाल्या चेंगरा चेंगरीच्या फांटभुयेंर अंदु सरकारान ह्या जात्रेखातीर खासा लक्ष दिंवन सुरक्षा, तशेंच सोयिस्कर उपाय येवजण्यो भाविकांखातीर आखल्यात.

Taxi –

मुखेलमंत्री दोतर प्रमोद सावंत हांणी काल मंत्रालयात digital taxi policy विंशी येरादारी खाते, तशेंच गोंयच्या पस्तीस टॅक्सी संघटनाच्या जाळवणदारां बरोबर आपयिल्ली बसका खंयच्याच निश/कर्शा विणे जाली. डीजीटल एप बेस्ड टॅक्सी सेवेक टॅक्सी संघटनेच्य जाळवणदारांनी विरोध केला.

इतले मजगती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे विंशी उलयतना गोंयात येवपी पर्यटकांक तशच टॅक्सी वेवसायिकांक येरादारी सेवा दितना येवपी प्रस्न मुटावे करपाच्या हेतान डीजीटल माध्यम गरजेचे आसा अशे म्हणला.

Deviya –

Goa cashew fest 2026 अंदु 10 ते 12 April मजगती पणजे दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर जातलें. मुखेलमंत्री दो. प्रमोद सावत ह्या महोत्सवाचे उक्तावण करतले अशी म्हायती गोंय रान उदरगत महामंडळाच्यो अध्यक्ष आनी पर्येची आमदार देविया राणे हाणी पणजेत घेटीलल्या पत्रकार परिषदेंत दील्या.

Weather –

चडांत चड तापमान 33-34°C

उण्यांत उणे तापमान - 24-25degrees celcius

Cricket –

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात जाल्ले दुसरे सेमीफायनलींत भारतान इंग्लंडाक 7 धांवड्यांनी हारोवन फायनलींत पावल घाले.

आयतारा अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जावपा आशिल्ल्या फायनलींत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो.